# कार्यपत्रक

# यत्ता:तिसरी कोंकणी

शिक्षण संचालनालय
राज्य शिक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिषद
गोवा समग्र शिक्षा
२०२०-२०२१

**यत्ताः– तिसरी**

**विशयः– कोंकणी**

पालकांकडेन नमळायेचें मागणें..
पालक इश्टांनो,

समेस्त संवसार कोविड-19 दुयेंसाक लागून चिंतेस्त आसा. सगळे वेव्हार आसा त्याच जाग्यार थांबल्यात.
ह्या म्हामारीक लागून शाळाय थांबल्यात. आनी त्यो केन्ना सुरू जातल्यो, हें ह्या खिणाक कोणूच सांगपाक शकना.
फाटले कांय दीस तुमचीं भुरगीं तुमच्याच सांगातान आसात. जून म्हयनो हो शाळा सुरू जावपाचो. नवीं पुस्तकां, नवें शाळा साहित्य, नवे इश्ट, हांची भुरग्यांक सदांच उमळशीक.
पूण ह्या वर्सा मात परिस्थिती माल्शी खेरीत! ह्या वर्सा तुमकांच तुमच्या भुरग्यांचे पालक आनी शिक्षकय जावचे पडटले. हेखातीर घरा रावून कसो जमता तसो तुमच्या भुरग्यांचो अभ्यास तुमीच घेवचो पडटलो.
भुरग्यांचो अभ्यास घेवपाखातीर आमी 15 दिसांचें कार्यपत्रक तयार केलां. तातूंत दिल्ल्या सुचोवण्यांप्रमाण भुरग्यांकडल्यान अभ्यास करून घेवचो आसा.
भुरग्यांक हांसपाक, खेळपाक खूप आवडटा. शाळेंत तीं आपल्या इश्टांकडेन खेळत, हांसत आपलो अभ्यास पुराय करतात. आमी दिल्ल्या कार्यपत्रकांतय तांचें शिक्षण हांसत, मजेंत जातलें, हाची जतनाय घेतल्या.
भुरगीं अभ्यासांत गुल्ल जातलीं, अशें वातावरण घरांत निर्माण करचें, अशी पालकांकडच्यान अपेक्षा आसा. पालकांचें सहकार्य मेळटलेंच, हाची आमकां खात्री आसा.
भुरग्यांच्या पर्जळीत फुडाराखातीर जें कितें करप शक्य आसा, तें करपाखातीर तुमच्या-आमच्या एकठांवल्ल्या यत्नांची जोड दिवया.

सगळ्यांक देव बरें करूं.

**यत्ताः– तिसरी**
**विशयः– कोंकणी**
**घटक - १ :  पिकी पिकी काजुले**

**सूचनाः–**

**पालकांखातीरः–** पालकांनी कविता सूस्वरान म्हणून घेवची.

**भुरग्यांखातीरः–** भुरग्यान कविता पाठ करची.

**अध्ययन निश्पत्ती–** १. भुरग्यांक सैमाचें वर्णन करपाक कळटा. २. सूर, ताल, आनी हावभावान कविता म्हणटात. ३. -हस्व, दीर्घ हीं उतरां वाचतात. ४. चित्रां पळोवन वाक्यां तयार करतात.

## <u>कवितेचें नांव १ पिकी पिकी काजुले</u>

१. पिकी पिकी काजुले



पिकी पिकी काजुले
पिकी पिकी काजुले
रात सोबय
चोम्या चोम्यांनी
उडले बरे

झाडा पानांनी
खेळ्ळे बरे
दीसभर लिपले
रातभर दिसले
लिकी लिकी
पिकी पिकी काजुले

बारीक काजुले
बारकेले
वयर मळबांत
लिकलिकले

खोमसार बसले
केंसांत लिपले
लिकी लिकी
पिकी पिकी काजुले

## आशय

ह्या कवितेंत कवी काजुल्याविशीं सांगता. कवी म्हणटा, काजुले दिसभर लिपता, रातभर दिसता. काजुले झाडा पानांनी खेळटा. बारीक काजुले वयर मळबांत लकलकता, तशेच खोमसार बसता आनी केंसांत लिपता. अशें आमकां सांगता.

नवीं उतरां:

१. लिकी लिकी — लकलकपी

२. पिकी पिकी — पेट्टा, वाडवता

३. पानांनी — पानांमदीं

४. बारकेले — ल्हान

५. खोमसार — कपड्यार

प्र. कविता वाचून प्रस्नांच्यो एका उतरांत जापो बरयात.

१. काजुले खंय लिपता?

जाप ______________________

२. काजुले खंय खेळटा?

जाप ______________

३. काजुले खंय बसता?

जाप ______________________

प्र. कविता वाचून रित्या सुवातांनी योग्य उतरां भरात.

१. बारीक काजुले बारकेले वयर ____________ लिकलिकले.

२. खोमसार बसले ________ लिपले, लिकी लिकी पिकी पिकी काजुले.

## कार्यपत्रक - १

**यत्ताः– तिसरी**
**विशयः– कोंकणी**
**घटक १. पिकी पिकी काजुले**

**सूचनाः**

**पालकांखातीरः** पालकांनी भुरग्यांक कार्यपत्रक सोडोवपाक आदार करचो.

**भुरग्यांखातीरः** फोडणीशी केल्लीं उतरां सारकीं करून बरोवचीं.

**अध्ययन <u>निशपत्ती:</u>** भुरगीं फोडणीशी केल्लीं अक्षरां पळोवन योग्य उतर तयार करता.

**प्र. सकयल दिल्लीं उतरां जोडात.**

**जशेः– प +ि + क +ी = पिकी**

१. क + ा + ज + ु + ल + े = ________

२. र + ा + त = ________

३. व + य + र = ________

४. स + ो + ब + य = ________

## कार्यपत्रक – २

**यत्ताः– तिसरी**
**विशयः– कोंकणी**
**घटक - १ : पिकी पिकी काजुले**

---

**सूचनाः**

**पालकांखातीरः** पालकांनी भुरग्यांक कार्यपत्रक सोडोवपाक आदार करचो.
**भुरग्यांखातीरः** भुरगीं चित्रां पळोवन नांवां बरयतात.
**अध्ययन निश्पत्ती:** भुरगीं चित्रां वांगडा उतरांचो संबंद लायता.

---

**प्र. चित्रां पळोवन नांवां बरयात.**



= ________



= ________



=__________

**कार्यपत्रक - ३**

**यत्ताः– तिसरी**
**विशयः - कोंकणी**
**घटक - १ : पिकी पिकी काजुले**

---

**सूचनाः**

**पालकांखातीरः** पालकांनी भुरग्यांक कार्यपत्रक सोडोवपाक आदार करचो.

**भुरग्यांखातीरः** भुरग्यांनी उतरां पळोवन वाक्यां तयार करचीं.

**अध्ययन <u>निशपत्ती:</u>** भुरगीं नितळ अक्षरान वाक्यां तयार करतात.

---

**प्र. सकयल दिल्लीं उतरां पळोवन वाक्यां तयार करात.**

**जशेः काजुले = काजुले झाडाचेर खेळटा.**

**१. रात = ____________________**

**२. मळब = ____________________**

**३. दीस = ____________________**

**४. झाड = ____________________**

## **कार्यपत्रक - ४**

**यत्ताः– तिसरी**
**विशयः– कोंकणी**
**घटक - १ : पिकी पिकी काजुले**

---

**सूचनाः**

**पालकांखातीरः** पालकांनी भुरग्यांक कार्यपत्रक सोडोवपाक आदार करचो.

**भुरग्यांखातीरः** भुरग्यांनी वाक्य पाठ करचें.

**अध्ययन <u>निश्पत्ती:</u>** भुरगीं नितळ अक्षरान वाक्य बरयता.

---

**प्र. सकयल दिल्लें वाक्य नितळ अक्षरान पांच फावटीं बरयात**.

**१ खोमसार बसले केंसांत लिपले.**

१ ------------------------------------------------------------

२ ------------------------------------------------------------

३ ------------------------------------------------------------

४ ------------------------------------------------------------

५ ------------------------------------------------------------

**कार्यपत्रक - ५**

**यत्ताः– तिसरी**
**विशयः– कोंकणी**
**घटक १. पिकी पिकी काजुले**

---

**सूचनाः**

**पालकांखातीरः** पालकांनी भुरग्यांक कार्यपत्रक सोडोवपाक आदार करचो.

**भुरग्यांखातीरः** भुरग्यांनी चिन्नां पळोवन उतरां तयार करचीं.

**अध्ययन निश्पत्ती:** विचार करून बरोवप.

---

**प्र. सकयल दिल्लीं चिन्नां वळखून पांच – पांच उतरां तयार करात.**

**जशेः– ा = कान, आवाळो, माडार, सायकल, शाळा.**

१. ि = ——————————————————————————————

२. ी = ——————————————————————————————

३. ु = ——————————————————————————————

४. ू = ——————————————————————————————

५. े = ——————————————————————————————

६. ै = ——————————————————————————————

७. ो= ——————————————————————————————

८.ौ = ——————————————————————————————

९. ं = ——————————————————————————————

This work is a production of Teachers, Teacher Educators and Technical Support Group of the Directorate of Education, State Council of Educational Research & Training and Goa Samagra Shiksha, Govt of Goa. Images used in the worksheet are not owned by the authors. This document is for instructional purposes only and cannot be reprinted for commercial purposes.